# दक्षीण गोंयच्या शार वाठारांनी दिव्यांगां खातीर पार्किंग सुवातो अधिसुचीत

ता. 10 जानेवारी 2025

दक्षीण गोंय जिल्हो न्याय दंडाधिकाऱ्यान दक्षीण गोंयच्या शार वाठारांनी दिव्यांगां खातीर पार्किंग सुवातो अधिसुचीत केल्यात. मडगांव शारांत सपना प्लाझा बिल्डिंग, पाजिफोंड, कारो कॉर्नर, मडगांव, चाम्पस स्पोर्टस शॉपा लागी, न्यु मार्केट, रविंद्र भवन, युनियन बँक ऑफ इंडिया सामकार, मडगांव रेजिडन्सी, फातिमा कॉन्वेंट सामकार, एसबीआय सामकार, उल्हास ज्वेलर्स सामकार आनी एमपीटीएस सामकार सुलभ शौचालयालागी दिव्यांगां खातीर पार्किंग सुवात अधिसुचीत केल्या.

वास्को शारांत जिल्हाधिकारी कार्यालय आनी न्यायालया सामकार आनी एफ. एल. गोम्स रस्त्यार एडीटी कार्यालया लागी, फोंडा शारांत सरकारी तालुका वाचनालय, मामलेदार कार्यालय आनी न्यायालया सामकार, स्टेट बँक ऑफ इंडिया, आंजोस जनरल स्टोअर, वयलो बाजार, गोवा बागायतदार आनी गंगानाथ स्टोअरा सामकार दिव्यांगां खातीर पार्किंग सुवात अधिसुचीत केल्या.

तशेंच कुडचडे शारांत जीसुडा मार्केटा लागी, कदंबा बस स्टॅण्ड, पोरणी नरगपालिका इमारत ते रेल्वे स्टेशन, फ्लोरा बार एण्ड रेस्टोरेंटालागी, कुडचडे पुलीस स्टेशन आनी गोवा बागायतदारा लागी, काणकोण शारांत सामाजिक भलायकी केंद्र, मामलेदार कार्यालय आनी ओल्ड बस स्टॅण्ड, केपे शारांत आरटीओ ऑफिस बिल्डिंगे लागी दिव्यांगां खातीर पार्किंग सुवात अधिसुचीत केल्या.

तशेंच कोलवा वाठारांत कोलवा बीच सर्कल- रॅम्प-1 आनी बाणावली बीच, दाबोळी विमानतळार आगमन आनी गमन गेटी लागी दिव्यांगां खातीर पार्किंग सुवात अधिसुचीत केल्या.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/38

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.